**गोंय लोक सेवा आयोग**

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 7 वर्स 2025**

11 /07/ 2025 दिसा प्रकाशीत

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**प्रतिनियुक्तीचेर बदली केल्लीं पदां सोडून हेर सगळया पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 25-07- 2025 आसा.**

**फकत प्रतिनियुक्तीचेर बदली रुपान पदांचे अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 25-08- 2025 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.gov.in वा गोंय सरकारचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**टीप:1)** अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

**ए) ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

**बी) ऑफलायन**

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज, रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल नामो आनी मोबायल क्रमांक चुकय नासतना दिवंक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल नाम्याचेर/मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटले. सगळया उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचीं ईमेल/खातीं/ मोबायल फोन/आयोगाचें संकेतथळ नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टिप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तींत इंग्लीश आवृत्ती परस खंयच्योय विसंगती दिसल्यो जाल्यार इंग्लीश प्रत प्रामाणीत मानतलें.**

## I. दक्षता संचालनालय

**वरिश्ठ तंत्रीक परिक्षक, ( Senior Technical Examiner ) प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून**

**...... 1 पद (अन- आरक्षीत) (4 थे फावटी)**

**वेतन श्रेणी: टप्पो -12**

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: केंद्र /राज्य सरकार आनी केंद्र शासीत प्रदेश क्षेत्रांत अनुरुप श्रेणींतलीं पदां धारण केल्ले अधिकारी:

(a)(i) अधिक्षक अभियंतो वा तत्सम; वा

(ii) कार्यकारी अभियंतो वा तत्सम श्रेणींत 5 वर्सांची सेवा आशिल्ले; वा

(b) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान नागरी अभियांत्रिकीची पदवी वा तत्सम आनी संशोधन संस्थेंत काम केल्लो अणभव आसूंक जाय (प्रतिनियुक्तीच्या कालावधी सयत तेच संस्थेंत/ खात्यांत हे नेमणुके आदीं आशिल्ल्या दुसऱ्या आदल्या केडर पदाचेर प्रतिनियुक्तीचो कालावधी सादारणपणान 4 वर्सां परस चड आसूंक जायना)

## II.मुख्य वेंचणूक अधिकाऱ्याचें कार्यालय

1. सहाय्यक संचालक (आयटी), [Assistant Director] (IT), प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून .... 1 पद (अन- आरक्षीत)

वेतन श्रेणी: टप्पो -7

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) राज्य सरकारा खाला नियमीत समान पदाचेर आशिल्ले अधिकारी.

(ii) थेट भरती करपा खातीर निर्दिश्ट केल्ल्या प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ले श्रेणींत पांच वर्सां नियमीत सेवेंत आशिल्ले वेतन श्रेणीच्या टप्पो 6 तलो अधिकारी, म्हणजे.

मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांत म्हायती तंत्रज्ञान/ इलॅक्ट्रॉनिक्स / संगणक अभियांत्रिकी/ इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी दूरसंचार फांट्यांत अभियांत्रिकी पदवी.

वा

संगणक एप्लिकेशनांत पदव्युत्तर पदवी.

2. उपसंचालक (आयटी), Deputy Director (IT) प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून .... 1 पद (अन- आरक्षीत)

वेतन श्रेणी: टप्पो 10

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) राज्य सरकारा खाला नियमीत समान पदाचेर आशिल्ले अधिकारी.

(ii) थेट भरती करपा खातीर निर्दिश्ट केल्ल्या प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ले श्रेणींत पांच वर्सा नियमीत सेवेंत आशिल्ले वेतन श्रेणीच्या टप्पो 7 तलो अधिकारी, म्हणजे.

मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांत म्हायती तंत्रज्ञान/ इलॅक्ट्रॉनिक्स / संगणक अभियांत्रिकी/ इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी दूरसंचार फांट्यांत अभियांत्रिकी पदवी.

वा

संगणक एप्लिकेशनांत पदव्युत्तर पदवी.

## <u>III. अन्न आनी वखदां प्रशासनाचें संचालनालय</u>

**कनिश्ठ विज्ञानीक अधिकारी (अन्न), Junior Scientific Officer (Food) प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून .... 1 पद (अन- आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** टप्पो -7

**आवश्यक:** केंद्र / राज्य सरकार आनी संघ प्रदेश प्रशासना खाला अधिकारी

(i) नियमीत समान पदाचेर आशिल्ले

वा

(ii) श्रेणी 5500-9000/- (पूर्व सुदारीत) आनी ताचे वयर रसायनशास्त्रज्ञ (अन्न) पदाचेर 5 वर्सां नियमीत सेवा दिवन थेट भरती जाल्ल्यां खातीर थारायिल्ली शिक्षणीक पात्रताय आनी अणभव आसप, म्हणजे

(1)भारतांत कायद्यान स्थापन केल्ल्या विद्यापिठांतल्यान रसायनशास्त्र वा जैवीक रसायनशास्त्र वा अन्न तंत्रज्ञान वा सूक्ष्मजीवशास्त्र वा अन्न आनी वखदां ह्या विशयांत पदव्युत्तर पदवी वा रसायनशास्त्र संस्थेन (भारत) घेतिल्ल्या अन्न विश्लेशण विभागांत परिक्षा दिवन रसायनशास्त्रज्ञ संस्थेचो (भारत) सहयोगी आसप आनी सरकाराचे मान्यताय प्राप्त प्रयोगशाळेंतल्या वा गोंय सरकाराच्या अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयाच्या संयुक्त अन्न प्रयोगशाळेंत अन्न विश्लेशणांत पदव्युत्तर पदवी घेतल्या उपरांत, उण्यांत उणो 3 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

(1) केंद्र सरकारान अश्या उद्देशान नियुक्त केल्ल्या आनी अधिसुचोवणी दिल्ल्या मंडळान भौशीक विश्लेशक म्हूण नेमणूक करूंक पात्र आसा.

## IV. शिक्षण संचालनालय

**शिक्षण उप- संचालक / उप- संचालक प्रौढ शिक्षण / संचालक, राज्य शिक्षण संस्था/ प्राचार्य, जिल्लो शिक्षण आनी प्रशिक्षण संस्था/ उप-संचालक, वेवसायीक शिक्षण_...... 1 पद (हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत) (2 रे फावटी)**

**वेतन श्रेणी** : VII वेतन आयोगाच्या वेतन मॅट्रिक्साचो वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 12 + 4 (चार) चक्रवाढ नाशिल्ली मूळ पगाराचेर वाढ (रू. 15,600- 39,100/- + ग्रेड पे 7600/-(भाग-ब)+ 04 (चार) पीबी-3 च्या प्रमाणें चक्रवाढ नाशिल्ली मूळ पगाराचेर वाढ)

**पिरायः** 50 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :-**

**आवश्यक:** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान उण्यांत उणी द्वितीय श्रेणीची मास्टर्स पदवी वा तत्सम. (ii) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान शिकोवप/ शिक्षणाची पदवी वा तत्सम. (iii) खंयचेय शाळेंत / उच्च माध्यमीक शाळेंत वा शिक्षण प्रशिक्षण संस्थेंत जापसालदार प्रशासकी पदाचेर उण्यांत उणो 5 वर्सांचो अणभव आशिल्लो, असो एकूण 12 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** (i) मान्यताय प्राप्त शाळेंत/ उच्च माध्यमीक शाळेंत / इंटरमिडियेट कॉलेजींत प्रशासकी कारभाराचो अणभव. (ii) खंयच्याय विशयांतली डॉक्टरेट. (iii) भौशीक शाळेंतलो अणभव. (iv) खंयचेय शिक्षणीक संस्थेंत निरीक्षण अधिकारी म्हूण अणभव. (v) मराठीचें गिन्यान.

## V. तंत्रीक शिक्षण संचालनालय

### अ. सरकारी पॉलिटॅक्नीक (Government Polytechnic)

**वास्तुशिल्प सहाय्यकपदांत व्याख्यातो (Lecturer in Architectural Assistantship) ....... 1 पद (अन-आरक्षीत) (2 रे फावटी)**

**वेतन श्रेणीः** सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 9A प्रमाणें **पिराय - 45 वर्सां परस चड आसूंक** जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक :** (i) वास्तुशिल्पांत पयले श्रेणींत पदवी वा तत्सम पात्रताय आसूंक जाय.

(ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिकः** (i) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

### ब. गोंय कला महाविद्यालय GOA COLLEGE OF ART

**प्राचार्य (Principal) ..... 1 पद (अनारक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** मॅट्रिक्स टप्पो 14 प्रमाणें **पिराय-** 50 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यक –** i) डॉक्टर ऑफ फिलॉसॉफी (पीएच.डी). ii) संबंदीत फांट्यांत पयले श्रेणीचे तत्सम वा एक तर बॅचलर वा मास्टर पदवीचे तत्सम. ii) पर्यवेक्षक / सह – पर्यवेक्षक म्हूण मार्गदर्शन (गायड) केल्ल्यो उण्यांत उण्यो दोन पीएच.डी आनी विज्ञान उल्लेख निर्देशांक (एससीआय) जोर्नल/ विद्यापीठ अनुदान आयोग (यूजीसी)/ ऑल इंडिया कावन्सील फॉर टॅक्निकल एज्युकेशन (एआयसीटीई) हांणी मान्य केल्ल्या जोर्नलांचे वळेरीचीं उण्यांत उणीं आठ संशोधन प्रकाशनां. (iii) शिकोवप/ संशोधन/ वेवसायांत पंदरा वर्सांचो अणभव, जातूंतलीं उण्यांत उणीं 3 वर्सां प्राध्यापकाच्या स्तराचेर आसूंक जाय.

(iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :–** मराठीचें गिन्यान.

<u>VI. उच्च शिक्षण संचालनालय</u>

<u>सरकारी महाविद्यालय</u>

प्राणीशास्त्रांत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Zoology) .... 1 पद (दिव्यांग व्यक्ती खातीर आरक्षीत ( सेरेब्रल पाल्सी , कुश्टरोगांतल्यान बरो जाल्लो, गिड्डो, एसीड हल्ल्याचो बळी आनी मस्कूलर डिस्ट्रॉफी सयत लोकोमोटर अपंगत्व ) (2 रे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू. 15,600-39,100+6,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें)

पिराय - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:--

आवश्यक : (I) भारतीय विद्यापिठांतल्यान संबंदीत विशयांत पदव्युत्तर पदवी पांवड्यार उण्यांत उणे 55% गूण वा तत्सम श्रेणी घेवन बरी शिक्षणीक नोंद, वा विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी. (ii) सहाय्यक प्राध्यापक म्हूण नेमणुके खातीर राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (एनईटी) / राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (एसईटी) ह्या परिक्षांची आवश्यकता सक्तीची आसतली: पूण ज्या उमेदवारांक पीएच.डी प्राप्त जाल्या वा मेळ्ळया, जी “विद्यापीठ अनुदान आयोग (पीएच.डी पदवी खातीर किमान मानक आनी पद्धत), नियमन 2009 चें पालन करून दिल्या, तांकां म्हाविद्यालयांत प्राध्यापक वा त्या पांवड्या वयल्या पदा खातीर भरती वा नेमणूक करतना एनईटी/एसईटी चे किमान पात्रताये पासून सूट मेळटली.” (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छीक: (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा एम. फील. (ii) मराठीचें गिन्यान.

*अनुसुचीत जात/अनुसुचीत जमात/हेर मागास वर्गीय/दिव्यांग व्यक्ती ह्या वर्गां खातीर पदवीधर आनी मास्टर स्तराचेर पात्रतायेच्या निकशांत आनी शिक्षणीक पदांचेर थेट भरती करतना बरे शिक्षणीक नोंदीचें मुल्यांकन करूंक 5 टक्के सूट दिवं येता.